प्रादेशिक खबरो    ०७०८२०२5 @ ७.20

1 झोन बदला विशीं आमी पुराय मार्गदर्शक तत्वांक पाळो दिवनच प्रक्रीया करतांत. हातूंत कायद्याचे कसलेच उल्लंघन जायनाअशें नगर नियोजन मंत्री विश्वजित राणे हांणी दिली.

२ दक्षिण गोय जिल्लो हॉस्पिटलातल्या सुवातीच्या प्रश्नाचेर बेगोबेग लक्ष घाल्चे अशी मागणी विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हानी केल्या

3 परंपरीक माटोळेकार आनी रस्त्यार फुला विकपी भायल्या लोकांचो विशय फातोर्डुचे आमदार विजय सरदेसाय आणी सांत आंन्द्रेचे आमदार विरेश बोरकार हांणी माडलो

4 IT KNOWLEDGE CENTER ही येवजण आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत  हांच्या हस्तुकी चालीक लावपाचो शुभारंभ जालो

TCP 100

नगर नियोजन खात्याच्या कलम 39 (अ) सकयल २.७० लाख चौखण मीटर जमीनीचो झोन बदल्ला. ६२०० अर्ज आयल्ले तातूंतले फकत २०० अर्जाक मार्गदर्शक तत्वांक खरसाणेन पाळो दिवन मान्यताय दिल्या. अशी म्हायती सांत आंन्द्रेचे आमदार विरेश बोरकार हांणी सभाघरात प्रश्नोतर वेळार विचारिल्या प्रश्नाक जाप दितना  नगर नियोजन मंत्री विश्वजित राणे हांणी दिली.

जितले अर्ज आयल्यात तांचे अजून मेरेन झोन बदलाचे निमणी अधिसुचोवणी येंवकना.

झोन बदला विशीं आमी पुराय मार्गदर्शक तत्वांक पाळो दिवनच प्रक्रीया करतांत. हातूंत कायद्याचे कसलेच उल्लंघन जायना. जे अर्ज मार्गदर्शक तत्वा आड आसात तांका कशीच मान्यताय मेळना. जर मार्गदर्शक तत्वांचे उल्लंघन जाला आसत जाल्यात ते विशींची विशीष्ट कागाळ दाखल करची, अशें मंत्र्यान सांगले.

डेस्क युरी 50

दक्षिण गोय जिल्लो हॉस्पिटलात दोन माळे रिकामे आसा आनी ते नर्सिंग कोलेजी खातीर दवरल्या आणि हांगा  येवपी दुयेतींक सुवात नशिल्यान व्हील चेराचेर वा स्ट्रेचराचेर रावचे पडता हातून सरकारान बेगोबेग लक्ष घाल्चे अशी मागणी विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हानी शून्य वराचेर केली. ताका आमदार विजय सरदेसाय हानी तेको दिलो.

डेस्क 45

वास्को बस स्थानकाचेर रेंट अ कार तशेच हेर भायल्यो बसी आणि केंना केन्ना कदंब बसी कशाय कशो पार्क करतात. हाका लागून शाळेत वचपी विद्यार्थी आणि ऑफिसात वचप्यांक त्रास जाता हाचेर कारवाय करपाची मागणी आमदार कृष्ण साळकार हानी केली. ताचेर कारवाय करपाचे उतर मंत्री माविन गुदिन हानी दिले

रश्मी 110

परंपरीक माटोळेकार आनी रस्त्यार फुला विकपी भायल्या लोकांचो विशय फातोड्डेचे आमदार विजय सरदेसाय आणी सांत आंन्द्रेचे आमदार विरेश बोरकार हांणी सभाघरात शुन्य प्रहार वेळार माडील्लो. ताचेर जाप दितना बाजारात बसपी परंपरीक माटोळेकारां कडल्यान सोपो कर घेवचो न्ही अशे निर्देश  पंचायत आनी पालिकांक दितले. तशेच जे भायले लोक होलसेल दरात फुला विकतांत तांचेर कारवाय करपाचे निर्देश पोलिसांक दितले, अशें आश्वासन मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिले.

जे गोंयकार गावठी भाजी पिकयतांत तांका त्यो विकपा खातीर बाजार मेळना. देखून तांका आपल्यो गावठी भाजी विकपांक मेळच्यो हे खातीर तांका पंचायतीन बाजाराची सुवात तयार करून दिवची, अशीं मागणी सरदेसाय हांणी केली.

जे परंपरीक माटोळेचे सामान विकतांत तांका त्रास करचे न्ही आनी तांका सोपो माफ करचो, अशी मागणी सरदेसाय हांणी केली.

रश्मि 180

११ व्या राश्ट्रीय हातमाग दिसाच्या निमतान आयज पर्वरे goa state rural livelihood mission तशेंच गोंय ग्रामीण उदरगत यंत्रणाच्या जोडपालवान कुणबी साडी तशेच कुणबी कापडापासत तयार केल्लया हेर वस्तुचो प्रदर्शनाचे पर्वरे मंत्रालयाच्या P.A.C सभाघरात आयोजन केल्ले. ह्या प्रदर्शनाचे उक्तावण मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले. ह्यावेळार गोंय विधानसभेचे सभापती रमेश तवडकार हाजीर आशिल्ले.

फाटल्या ६ वर्सात गोंयच्या हातमाग मळाचो राज्यात बरो विस्तार जाला. कुणबी कपडयाच्या साडयो, तशेंच शाल, कुणबीचे कपड्याचे आवरण आशिल्यो डायरी, कुणबी तुवाले, जॅकेट, ह्यो वस्तु तयार करुन तांका फकत गोंयांतुच न्ही जाल्यार जागतिक पांवड्याचेर ह्या वस्तुंक नांव आनी बाजारपेठ आता मेळळा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला. सरकार ह्यानफुडे लेगीत अशा हातमाग मळाक उर्बा दिवपाक सदाच तेको दितली अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी प्रदर्शनाचे उक्तावण केल्या उपरांत पत्रकारंकडे उलयतना म्हणला.

हालीच प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मनकी बात ह्या कार्यावळीत देशातल्या हातमाग मळाची तुस्त केलली. ह्या मळाक लागुन खुबशे रोजगार निर्माण जाल्या तशेच हातमाग कलेक महत्व आयला. स्वदेशी वस्तु उपेगात हाडपाचे आवाहन प्रधानमंत्री नरेंद्र मदी हांणी केल्ले. गोंयांतुय हातमाग मळाक उर्बा दिवपाक राज्य सरकारान नेट धरला. गोंयच्या खास करुन गांवगिऱ्या वाठारातल्या बयलांक

हांतुल्यान रोजगार मेळ्ळा. जाल्यार ह्या वस्तुंक देशासयत विदेशातुय लेगीत मागणी वाडल्या.

सुभाष 120

कला उत्सव २०२५ हो आंतर- शालेय सांस्कृतिक उत्सव ' २०४७ वर्साच्या विकसीत भारताखातीरची सपनां ' ह्या मध्यवर्ती संकल्पनेखाला जातलो अशी म्हायती गोवा समग्र शिक्षाचे प्रकल्प संचालक डॉ. शंभू घाडी हांणी सांगलां. ९वी , १०वी , ११वी आनी १२ वेचे विद्यार्थी ह्या कला उत्सवांत वांटेकार जावंक शकतात. राज्यातल्यो जिल्हो पांवड्यावेल्यो सर्ती ऑनलायन पद्धतीन जातल्यो. ८ ते ११ सप्टेंबर मजगती जावपी ह्या सर्तीखातीर १५ ऑगस्ट आदीं नोंद करची अशें आवाहन गोवा समग्र शिक्षा आनी शिक्षण संचालनालयान केल्या. २ ते ५ सप्टेंबर मजगती सर्तकांक आपआपले व्हिडीयो अपलोड करपाची मेकळीक आसतली. उत्तर आनी दक्षिण गोंय जिल्हो पांवड्यार जैतिवंत पंगड आनी सर्तक राज्य पांवड्यावेल्या कला उत्सवांत वांटेकार जातले. राज्य पांवड्यावेल्यो सर्ती ५ ते ८ नोव्हेंबर मजगती जातल्यो अशें गोवा समग्र शिक्षाचे प्रकल्प संचालक डॉ. शंभू घाडी हांणी सांगलां

रश्मी १९०

गोंय पर्यटन खात्याची homestay bread and breakfast तशेंच गोंय म्हायती आनी तंत्रगिन्यान खात्याचे महिला डिजीटल सक्षमीकरण, तशेंच गोयातल्या अनुसुचित जाती आनी अनुसुचित जमांतींखातीर IT KNOWLEDGE CENTER ही येवजण आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी चालीक लावपाचो शुभारंभ जालो. ह्यावेळार पर्यटन तशेंच म्हायती तंत्रगिन्यान खात्याचे मंत्री रोहन खंवटे, तशेंच म्हायती आनी तंत्रगिन्यान म्हामंडळाचे अध्यक्ष चंद्रकातं शेट्ये, मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट,

तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. homestay bread and breakfast येवजण गोंयचो hinterland tourism खातीर महत्वाची थारतली, तशेंच गावांन रावपाची सोय जायत जाल्यार पर्यटक हिन्टरलॅण्ड पर्यटनाकडे चड आर्कर्शित जातले अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. जाल्यार अनुसुचित जाती आनी जमातीच्या विद्यार्थ्यांक जमांतींखातीर IT KNOWLEDGE CENTER येवजण तंत्रगिन्यानाच्या शिक्षणाच्या नदरेतल्यान महत्वाची थारतली,खास करुन सागें, केपे, सत्तरी , दिवचल म्हालातल्या अशा समाजाच्या विद्यार्थ्यांक तांचो फायदो जातलो अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला. बायलांचे डीजीटल सक्षमीकरण करपच्या नदरेतल्यान आयटी खात्याची बायला डिजीटल सक्षमीकरण बायलांक डिजीटल साक्षरतेसयत, ऑनलायन वेव्हार करपाविंशी गिन्यान दितले. खास करुन ग्रामीण भागातली बांयला ह्या येवजणेवरवी सक्षम जातले अशे मत मुखेलमंत्र्यान व्यक्त केल्या.

प्रसाद 140

मर्दनगडा संबंदींचे वावर आनी शौर्याची म्हायती पोर्तुगेज दस्तावेजांत मेळटा. मर्दनगड हो एकमेव किल्लो छत्रपती संभाजी महाराजान स्वता बांदिल्लो, ताणी हेर किल्ले हेरांकडेन झगडून जिखून घेतल्यात. पुरातत्व खात्यान मर्दनगाडाक दायज स्थळ म्हूण कळोवचें आनी मर्दनगाडाची जतनाय आनी राखण करची अशी मागणी सध्या वाडत आसा. पोर्तुगेजांनी बरयल्ल्या इतिहासांत मर्दंगडच्या मराठा किल्ल्याचो उल्लेख मेळटा. देखून हाचेर कोणाकूय हरकत घेवपाक कारण ना. गोमंतक ही भोगाची भूंय न्हय, तर देवाची भूंय, तपस्यीची भूंय, आध्यात्मिक भूंय, अशे पुरातत्व मंत्री सुभाष फळदेसाय, हांणी सांगले. मंत्री सुभाष फाल्देसाय हानी आज 7 ऑगस्टाक सकाळीं मर्दंगडाक भेट दिली. ह्या वेळार ताचे वांगडा

पुरातत्व विभागाचे संचालक निलेश फळदेसाय, इतिहासकार सचिन मडगे, मर्दंगड संवर्धन समितीचे पदाधिकारी आनी वांगडी, 'अपरंत अस्मिता', 'जगदंबा धोलताशे मंडळ' आनी रान खात्याचे अधिकारी हाजिर आशिलले.
मर्दनगडाचे संवर्धनाची मागणी करपी थाराव 8 ऑगस्टाक विधानसभेंत सादर जावपाचो आसा म्हणून मंत्री सुभाष फाल्देसाय आनी खात्याचे संचालक निलेश फाल्देसाय हांणी मर्दनगडा विशीं सविस्तर म्हायती जाणून घेवपा खातीर मर्दनगडाक खाशेली भेट दिलीहाचे उपरांत मंत्री सुभाष फाल्देसाय हांणी थंयच्या मार्कर टॉवराचेर केशरी ध्वज उबारलो.

तापमान 60

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान २७.२ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २४.4 डिग्री सेल्सिअस दाबोळे नोंद जाला आनी हवेतली आर्द्रता ९७ % नोंद जाला. राज्यात 35-26 डिग्री सेल्सिअस तापमान आसतले. राज्यात काय सुवातिनि गडगडासयत वीज आणि पावस पडू येता तशेच वारे ४५ ते 55 किलोमीटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 65 किलोमीटर वाडू येता असो आदमास वेध शाळेन उकतायला

स्पोर्ट्स 60

स्पोटिंग क्लब दवर्लीक 3-1 अशा फरकांनी हारोवन नावेली स्पोर्टिंग क्लबान बेताळभाटी व्हिलेजर्स करंड फुटबॉल सर्तीचे फुडले फेरयेंत सुवात मेळयली. बेताळभाटी पंचायतीच्या मैदानाचेर सर्तीचें आयोजन केली
निर्धारीत वेळाच्या खेळांत दोनूय क्लब 1-1 अशे बरोबरींत आशिल्ले. 'नावेली वतीन मॅक्विन गोम्सान गोल केलो, जाल्यार दवर्ली वतीन ॲलेण्ट कुलासोन बरोबरीचो गोल केलो. ताका लागून निकाल लावपाक टायब्रेकराचो आदार घेवचो पडलो. हातूंत नावेलीन जैत जोडलें.